**केंद्रीय गृहमंत्र्याहस्तुकीं कुर्टी-फोंडे हांगा एनएफएसयु च्या ट्रान्जिट कॅम्पस इमारतीचे उक्तावण**

ता. 14 ऑक्टोबर 2021

केंद्रीय गृहमंत्री श्री. अमीत शाह हांणी आयज कुर्टी-फोंडे हांगा राष्ट्रीय फॉरेन्सिक सायन्स विद्यापिठाच्या (एनएफएसयु) ट्रान्जिट कॅम्पस इमारतीचे उक्तावण केले.

तांचें पयली श्री. अमीत शाह हांणी धारबांदोडा हांगा नॅशनल फॉरेन्सिक सायन्स विद्यापिठाचे भुमिपूजन केले.

कार्यक्रमाच्या थळार गृहमंत्री आनी हेर मानेस्तांक विद्यापीठाचे कार्यकारी निबंधक श्री सी.डी. जडेजा हांणी येवकार दिलो.

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, केंद्रीय पर्यटन आनी बंदरे, जहाजबांधणी आनी जलमार्ग राज्यमंत्री श्री श्रीपाद येसो नाईक, उपमुख्यमंत्री श्री चंद्रकांत कवळेकर, भौशीक बांदकाम मंत्री श्री दीपक प्रभु पाऊसकर, कला आनी संस्कृती मंत्री श्री गोविंद गावडे, राज्यसभा सदस्य श्री विनय तेंडुळकर, केंद्रीय गृह सचीव श्री. अजय कुमार भल्ला, गृह वेव्हार मंत्रालयाच्यो अतिरिक्त सचीव पुनियासलीला श्रीवास्तव, आदले मुख्यमंत्री श्री. रवी नाईक, श्री. नरेंद्र सावईकर, प्रभारी मुख्य सचीव श्री. पुनित कुमार गोयल, उपकुलगुरू डॉ. जे. एम. व्यास, कॅम्पस संचालक प्रो. डॉ. एस. ओ. जुनारे आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

राष्ट्रीय फॉरेन्सिक सायन्स विद्यापिठाचे उपकुलगुरू डॉ. जे. एम. व्यास हांणी केंद्रीय गृहमंत्र्याक विद्यापिठ प्रकल्पाविशी म्हायती दिली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/862

-

-

-

-

-

-

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji